आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा

22 April 2025 6.30pm

पीएम जेद्दाह - 70

साउदी अरेबियाच्या दोन दिसांच्या अधिकृत भेटीचेर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जेद्दाह हांगा पावले. विमानतळार ताका 21 बंदूक सलामी दिवन, येवकार दिलो. खाशेलो येवकार म्हणून, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या विमानाक साउदी हवाई क्षेत्रांत प्रवेश करतना, रॉयल साउदी हवाई दळाच्या एफ-15 झुजारी विमानांनी येवकार दिलो. युवराज आनी प्रधानमंत्री मोहम्मद बिन सलमान हांच्या आमंत्रणावेल्यान, ही प्रधानमंत्री मोदी हांची, सावदीक तिसरी भेट आसा आनी दोनूय राश्ट्रां मदीं खोलायेन वाडत वचपी रणनिती, भागीदारीचें हे प्रतिबिंब आसा.

पोप कार्डिनल बसका - 60

आयज कार्डिनलांची बसका जाले उपरांत, व्हॅटिकनान पोप फ्रांसिस हांच्या निमाणे संस्काराची येवजण, जाहीर केली. पोप फ्रांसिस हांचेर शेनवारा सेंट पीटर स्क्वेरात निमणे संस्कार जातले आनी फाल्यां सेंट पीटर बॅसिलिका हांगा, ताची कूड दर्शना खातीर दवरतले. पोप फ्रांसिस काल व्हॅटिकनांतल्या, आपल्या निवासस्थानार संवसाराक अंतरले. संवसार भरांतल्यान तांची, उदार-मतवादी सुदारक म्हणून याद कडून, श्रद्धांजली ओपल्या.

व्हीपी संविधान - 60

संविधानांतलो आशय थारावपाक वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधीच, निमाणे सूत्रधार आसात, अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी सांगलां. दिल्ली विद्यापिठांत

एका कार्यावळींत उलयतना, उपराष्ट्रपतीनी संसद सर्वोच्च आसा, हाचेर भर दिलो. संविधानांत संसदे वयर, कसल्याच अधिकाराची कल्पना केली ना, अशेंय तांणी म्हळां. नागरिकांनी आपली अभिव्यक्ती, इत्सा दाखोवपा खातीर संविधाना खाला, आपले प्रतिनिधी वेंचून काडल्यात आनी ते वेंचणुके वेळार ह्या प्रतिनिधींक जापसालदार धरतात, अशेंय उपराष्ट्रपतीनी मुखार सांगलें.

अमेरिका VP – 90

भारत आनी अमेरिके मदल्या वेपारी संबंदांचेर ह्या शेंकड्याचो फुडार आदारून आसा, अशें अमेरिकेचे उप राष्ट्राध्यक्ष जे. डी. Vance हाणी म्हळें. अमेरिका आनी भारतान, वेपारी अटी अधिकृतपणान थारायल्यात, अशें तांणी सांगलें. अमेरिकेच्या उप राष्ट्राध्यक्षान आयज, जयपूरांतल्या राजस्थान आंतरराष्ट्रीय केंद्रांत जाल्ल्या, बिझनेस समिटांत उलोवप केलें. संरक्षण मळार, भारत हो अमेरिकेचो सगळ्यांत लागींचो आनी विस्वासपात्र भागीदार आसा. संवसारीक पांवड्यावेलीं संरक्षण उपकरणां भारताक दिवपाची, अमेरिकेची इत्सा आसा. उर्जेच्या मळार भारत आनी अमेरिके मदीं, भागीदारीची व्हड शक्यताय आसा. भारतांत नवी घरां बांदपा खातीर आनी जिणेचो दर्जो वाडोवपा खातीर, सुविधा विकसीत करपाक भागीदारीचेरूय, व्हॅन्स हांणी भर दिला.

Earth Day – 40

आयज धर्तरेचो दीस. पर्यावरण संरक्षणाक तेंको दाखोवपा खातीर, हो दीस संवसारभर मनयतात. १९६९ वर्सा, युनेस्कोच्या शिखर सभेंत हो दीस सुचयल्या उपरांत, १९७० वर्सा पयलो धर्तरी दीस मनयलो. ह्या वर्साचो विशय "आमची शक्त, आमचो ग्रह" असो आसा.

नेपाळ खट्टर - 60

केंद्रीय ऊर्जा, गृहनिर्माण आणि नागरी वेव्हार मंत्री मनोहर लाल, दोन दिसांच्या अधिकृत नेपाळ भेटीर आसात. परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या ऊर्जा क्षेत्रांतल्या,

मुखेल प्रकल्पांचेर चर्चा करप आनी दोनूय राश्ट्रां मदले द्विपक्षीय सहकार्य घटमूट करप,हो ह्या भेटीचो हेत आसा. काठमांडू पावतकच, नेपाळ सरकाराचे ऊर्जा सचीव सुरेश आचार्य, नेपाळांतले भारताचे राजदूत नवीन श्रीवास्तव, CMD, NHPC आनी हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी तांकां उमेदीन येवकार दिलो.

यूपीएससी निकाल - 90

केंद्रीय लोकसेवा आयोग, म्हळ्यार यूपीएससीन आपले नागरी सेवा परिक्षेचे २०२४ वर्साचे निमाणे निकाल जाहीर केल्यात. यूपीएससीन वट्ट 1 हजार 9 उमेदवारांची नेमणूक करपाची शिफारस केल्या, तातूंत 725 दादले आनी 284 बायलो आसात. पयल्या 25 उमेदवारांत 11 बायलो आनी 14 दादले आसून पयल्या पांच उमेदवारांत तीन बायलो आनी दोन दादले आसात. शक्ति दुबे हाणी, नागरी सेवा परिक्षेंत, 2024 वर्सा पयलें स्थान मेळयलां. केंद्रीय लोकसेवा आयोगान, नागरी सेवा परिक्षेची लेखी परिक्षा, फाटल्या वर्सा सप्टेंबरांत घेतिल्ली, उपरांत, अंदूं जानेवारी ते एप्रील ह्या काळांत, व्यक्तीमत्व चांचणे खातीर तांच्यो मुलाखती जाल्यो.

Sitaraman – 60

भारत अमेरिका प्रशासना कडेन सक्रीयपणान वावुरता आनी अंदूं द्विपक्षीय वेपार कराराचो पयलो टप्पो "सकारात्मक" रितीन सोंपोवपाची आस्त आसा, अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज सांगलें. ह्या वर्साचे सुरवेक अमेरिकेचे राष्ट्रध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, द्विपक्षीय वेपार करारा खातीर (बीटीए) उलोवणी सुरू करपाचें मान्य केलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकारान दिल्ले स्थिरतायेक लागून, भारत सगळ्यांत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था जाल्या, अशें तिणें सांगलें.

एमपी अपघात - 60

मध्य प्रदेशांतल्या, दमोह जिल्ह्यांत आयज एक प्रवासी गाडी नियंत्रण सोडून, खड्ड्यात पडली. ह्या अपघातांत एकाच कुटुंबांतल्या आठ जाणांक मरण आयलें, तातूंत तीन भुरगीं आनी पांच बायलांचो आस्पाव जाता. पांच जाण गंभीर जखमी जाल्यात, तांकां दामोह जिल्हो हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. ही म्हायती मेळ्ळया उपरांत, पुलिस घडणूक थळार पावले आनी थळाव्या लोकांच्या आदारान, तांणी जखमींक हॉस्पिटलांत दाखल केला.

उष्णतेची लाट - 70

केंद्र सरकारान, राज्यां आनी केंद्रीय शासित प्रदेशांक, उश्णतायेच्या ल्हारांखातीर सल्लो जारी करून, कामगार आनी मजुरांखातीर, बेगोबेग पावलां उबारल्यांत. नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सांगलें, कि मंत्रालयान हे संबंदी राज्य आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या सगल्या मुखेल सचीवांक आनी प्रशासकांक पत्र बरयलां. तांणी सांगलें, कि कामगारांक उश्णतायेच्या ल्हारापासून वाचोवपाक, प्रभावी उपाय चालीक लावपा खातीर उद्देग आनी बांदकाम कंपनींक, राज्य आनी केंद्र शासित प्रदेशांक निर्देश, जारी करपाक सांगला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, फाल्या सकाळी आठ वरा जावन, चाळीस मिनटांचेर.   नमस्कार!